**<u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक नव्या वर्साची परबीं</u>**

ता. 31 डिसेंबर 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक नवें वर्स- 2021ची परबीं भेटयल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, " नवें वर्स आमकां नवें संकल्प करपाची संद दिता. 2020 वर्स अनेक बाबतीत कस लावपी आशिल्ले. कोवीड-19 संसर्ग म्हामारीन आमच्या मुखार व्हड संकश्ट निर्माण केले. हे संकश्ट बेगीनात बेगीन पयस जातले आनी 2021 वर्स नवी उमेद, उत्साह आनी बरी भलायकी तशेंच नव्या विकासाचे पर्व घेवन येतले, अशी आमी आस्त बाळगूया.

नवें वर्स प्रत्येकाच्या जीणेत खुशालकाय, बरी भलायकी आनी भरभराट घेवन येव, अशें हांव मागता " अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/774

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa